# शिरगांव जात्रेतल्या खेटाखेटीच्या घडणूकेचेर राज्यपाला कडल्यान दुख्ख व्यक्त

ता. 3 मे 2025

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी शिरगांव हांगा काल राती श्री लईराई देवी जात्रेच्या वेळार जाल्ल्या खेटाखेटीच्या घडणूकेचेर दुख्ख उक्तायला आनी ह्या घडणूकेत मरण आयिल्ल्यांच्या कुटुंबांक सहानुभूती व्यक्त केल्या. तशेंच ह्या घडणूकेत जखमीं जाल्ले भाविक बेगीनात बेगीन बरें जावचे, अशी प्रार्थना केल्या.

केरळच्या अधिकृत दौऱ्याचेर आशिल्ले राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई ह्या घडणूकेची म्हायती मेळटाच गोंयांत येवपाक भायर सरल्यात. खेटाखेटीच्या घडणूकेत मरण आयिल्ल्यांच्या कुटुंबांक आनी जखमी जाल्ल्या भाविकांक मजत करपा खातीर राज्यपाल मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी थळाव्या अधिकाऱ्यां कडेन चर्चा करतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/433

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.